चिंगार

पूर्णानंद च्यारी

चिंगार

चिंगार

पूर्णानंद च्यारी

गोवा कोंकणी अकादेमी

चिंगार (कविता)	CHINGAR (Poetry)
कवी : श्री. पूर्णानंद च्यारी	Poet : PURNANAND CHARI
प्रकाशन क्र. ३१	Publication No. 31
© गोवा कोंकणी अकादेमी	© GOA KONKANI AKADEMI
उजवाडावपी : श्री. श. शां. केशकामत सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी, पर्वरी, गोंय.	Publisher : S.S.KESHKAMAT Secretary, Goa Konkani Akademi, Porvorim, Goa.
छापपी : कस्तुरी ग्राफिक्स, ढवळी, फोंडें, गोंय	Printer : Kasturi Graphics, Dhavali, Ponda, Goa.
मुखचित्र : कस्तुरी ग्राफिक्स, ढवळी, फोंडें, गोंय	Cover : Kasturi Graphics, Dhavali, Ponda, Goa.
पयली आवृत्ती : मार्च २०००	First Edition : MARCH 2000
मोल : ४५ /- रुपया	Price : Rs. 45 /-

पयलो चंवर येवजणेंतलें अकादेमीचें प्रकाशन

जिचे सोसणुकेचें

म्हाका सदांच अप्रूप दिसलें

ते म्हजे आईक -

सौ. आनंदीबायक.

पूर्णानंद (बाबा)

मांडावळ

मनमत ८

'चिंगार'-कांय जुवान सपनांचो भार !
विष्णू सुर्या वाघ ९

१. चिंगार १३

२. अंदणी १४

३. वाटो १५

४. अती जालीं संवंगां १७

५. झुल झुल्लार १९

६. बर्थ डे २१

७. काळजा घाय २२

८. दाखलो २४

९. नशेंतली दशा २५

१०. लोकण गेता बाई ऽऽ! २७

११. भिकारी २९

१२. पावसा, आसोर कर ३०

१३. पावसा रे ! ३२

१४. पावसा एक वसो असो दी ३३

१५. पावस तिंवळ्यो ३५

१६. जल्म ३७

१७. सरण ३८

१८. पुरूमेंत ३९

१९. माया ४०

२०. पुता यो ४१

२१. आवय ४३

२२. यादी ४४

२३. तुतयो ४५

२४. तुका लागून ४७

२५. एकलव्या ! ४८

२६. उतरां ५०

२७. उलो ५१

२८. दोंयतिकाय ५२

२९. कवनी रोकेटां ५३

३०. डायबेटीस ५४

३१. मोटार ५५

३२. ... आनी आमी? ५६

३३. जेजू ५७

३४. उश्टें ५८

३५. चली गे चली ५९

३६. शून्य हिशोब ६०
३७. राती ६१
३८. दर्या रे ६३
३९. तिंवळ्यो ६५
४०. मनमाची ६६
४१. फ्लॅटांतली दिवाळी ६८
४२. हाय रे देशा ६९
४३. हे माये ७१
४४. स्फूर्त माग ७२
४५. घट्टण पुराण ७४
४६. आमी थंयचे गा ७६
४७. भार कोणा खातीर ७७
४८. मंत्री येता ७८
४९. परीक्षा ८०
५०. कुरवांर्थ ८१
५१. तरसार्दीचे साद ८२
५२. नवें जग ८३
५३. चंवळ्यो ८४
५४. फिक्शन ८६
५५. प्रसववेणो ८८

मनमत

गोवा कोंकणी अकादेमीचे पयलो चंवर येवजणेखाला म्हज्या कवितांक उजवाड दिसता, ही गजाल म्हाका उर्बादिणीच आसा, पयल्या काव्य संग्रहांतल्यो म्हज्यो ह्यो पयल्यो-वयल्यो कविता. त्यो जेन्ना जेन्ना म्हज्या मनाचें आंगण सांसपीत आयल्यात, तेन्ना तेन्ना त्यो कोणें तरी आयकुवच्यो, वाचच्यो आनी त्या संदर्भांत म्हाका कितें तरी सांगचें अशें सदांच दिसलें आनी ते खातीर म्हजें काव्य वाचपाचो वा आयकुवपाचो सक्तीचो Punishment हांवे जांकां जांकां दिलो आनी तो जांणी जांणी स्विकारलो त्या सगळयांच्या उपकारांत हांव आसां. गोवा कोंकणी अकादेमीच्या रिणांत तर सदांच उरतलों. ते भायर म्हजे भाव-इश्ट श्रीधर कामत बांबोळकार, नित्यानंद नायक, राजय पवार, भूषण भावे, म्हजी घरकान्न रुपा ह्या सगळयांचो आदार म्हज्या चिंगाराक उपकारक थरला.

ह्या चिंगाराची धग वाडोवपी नवे घटणेची प्रस्तावना जांणी दिल्या ते भौ. विष्णू वाघ, तेचप्रमाण आपली पिराय आनी अधिकार विसरून म्हज्या सारक्याक समंजसपणान मार्गदर्शन करपी अकादेमीचे अध्यक्ष भौ. उदयबाब, अडचणी समजून घेवन संग्रहाच्या कामांत स्वता बारीकसाणेन लक्ष घालपी अकादेमीचे सहायक सचीव कमलाकर म्हाळशी हांच्या आपलेपणाक उपकारांत बंदीस्त कशें करचें तेंच कळना.

म्हाका आयलें तशें हांवें बरयलें. आर्दीमर्दी कोडू-गोड प्रतिक्रियांचें विटामीनय तांकां मेळ्ळां. विचारांचें आनी भावनांचें जोगूल ज्या खिणां पेटलें त्याच खिणां ताका उतरांनी बंदीस्त करचें अशें दिसलें. केन्ना तें हाताक लागलें, केन्ना सुटून गेलें. जें उरलें जावं परत सादयत आपोवन हाडलें, तांतल्यानच घडिल्ल्या बरपावळींतलें हें नवें काव्यकणस तुमच्या हातांत दवरतां.

जलधारा अपार्टमेंट, तळमजलो,
माडेल, मडगांव, गोंय

पूर्णानंद गजानन च्यारी

चिंगार - कांय जुवान सपनांचो भार !

म्हजो इश्ट पूर्णानंद
हो फकत कविता बरोवपी न्हय
कविता जगपी आत्मनिष्ट कवी.
हेरांनी माड्डिल्ल्या वाटांवयल्यान वचपाची
ताका व्हडलीशी उमळशीक ना.
तो घडोवंक पळयता
आपली खाशेली वाट नवी.
हो ताजो 'चिंगार'
-कांय जुवान सपनांचो भार !
मनीसपणाचे अधिष्ठानाचेर भौस उबो करपारवातीर
काळजांतल्यान गायिल्लो मल्हार !

जिणेंतल्या अनंत वाटांचो
एके व्रतस्थ उमळशिकेन
पूर्णानंद सोद घेता...
सभोंवतणच्या मरणसांवारांत लेगीत
तो जिणेची रोंपुली रोयता..
सरणउज्याच्यो जुंवाळोलेगीत
ताज्या काळजांत कोरांयतात
सत्वहीन रुखांच्यो वेदना...
तो हेडटा निरागस भुरगेपणाचो वेध घेत
पुरुमेंताचें फेस्त पळयताना..
स्वाभिमानाची पावणी करून
आपले विद्वत्तेक विकऱ्याची वस्त करपी कर्मकट्ट्यांची
ताका शेंटान शेंट-तिडक मारता..
फकत कुळाचें व्हडपण मिरयत
जातीचो झेत दाखोवपी
स्पेशल कुलीनांचीं म्हेळीं वस्त्रां

तो भरभरीत ओडून काडटा..
फ्लॅटांतल्या माकनी विकृतींच्यो तिस्त्यो करतना
खोपटयांनी कळवळपी लुण्या मनीसपणाचेर
पूर्णानंद धापूंक सोदता
मायेस्त उतरांची चादर...
आनी पावसाचीं अश्टदिकांनी कोंसळपी
रौद्ररुपां नियाळताना
ताचे दोळे मागतात
मळबाची विस्तीर्ण नदर !

रस्त्यादेगेक फातर फोडपी
कश्टकऱ्यांच्या तायटाक पडिल्ल्या फोडांचेर
फूक मारतना
या सपनाळया कवीच्या काळजाकय
पडटात घाय..
ताका जाणवता
जाण्टो जावन कोनश्याक पडिल्ल्या दादाच्या
तुतयाची मोनी करंदाय..
खंती जावन तो पळयता
आयचे आवयांची उखलापी माया,
फार्मासींतले चिंवेइतलीच सवाय...
दुकां धगीन काळीज कडलेउपरान्त
मन-मरणाचो सुंवाळो मनयतना
तो सोपोवन उडयता
सगले तरेची दोयंतिकाय...

क्रांतीचें पावस-पिशें घेवन
पूर्णानंद मळबायेद्या पोशांत मागता
वावझडींचें दान...
हावेसाचें जोगूल-काण घेवन
चंदनाचो परमळ सोदतना

तो करता धर्तरेची साण..
या तरण्या पिरायेंतय
ताचेमदल्या कवीन आत्मसात केल्या
प्रगल्भतायेन पगळल्ली जिवीत जाण !

पूर्णानंदाल्या कवितांतल्यान
म्हाकां आयकूंक येता
फुडारकाळाच्या तरसादींचो साद..
कविता गद्य आसल्यो तरीय
ताज्या उतरा-उतरांनी घुमत आसता
एक अंतःस्थ नाद..
मनमाचेवयलें सांवार नाटक पितारतना
तो तिगोवन दवरता
उध्वस्त गोबरांतल्यान लेगीत फुलपाची जिद्द
कोंकणी मायेची उर्ज - अस्मिताय
सांबाळपाचो हावेस बाळगीत
तो जाता फायच्या झुजाक सिध्द !

पूर्णानंदाल्या या उजवाड प्रवासांत
आतां आमीय जावचे पडटले
चैतन्याचे मार्गयात्री...
हो 'चिंगार' आयज ल्हान भासलो तरी
ताच्या काळजांतलीं जुवांळ सपनां
आमकां दितात खात्री...
या चिंगाराचें फाल्यां केन्नातरी
होमखण जातलें..
आनी अस्मितायेचें बेंत खांदार मारून
या भूंयचे पूत धोण जावन
इंगळयांचें रान माड्डीत वयतले !
शुभास्ते पंथानः सन्तुः !

विष्णू सुर्या वाघ

तुमच्यीच बऱ्यी वायट भानगडी
वृत्यी प्रवृत्यी
म्हाका उलोवंक प्रवृत्त करतात
तीच म्हजी स्फूर्त जाल्या।

चिंगार

भुजा भुजांनी पखवाज वाजले
कुडीचो चल्लो पार रे
हाता - हातांच्यो घुडयो नाचल्यो
सर्वांगाचेर भार रे
कानसुलांनी ताळ रंगले
शिरंतरांनी तार रे
पावलां पावलांनी धित्रांग घुमता
गजर गाज सावार रे
रुवां रुवांनी वाती उजळ्ळ्यो
भोंवतणा शिरंगार रे
हो पार रंगलो आरपार
उमाळ्यांचे हार रे
लौकीक पिशें देव उस्तिता
अलौकीक पारार रे
चेवूच जालो देव म्हगेलो
दिश्टाव्या चिंगार रे

अंदणी

बंदखणीच्या वण्टींक लेगीत
येवंक लागल्या वीट
सोसना जाल्या बंद्या पापां
बुनयादींनी बंडा कीट

रगता घाण उस्वासांक
उदका घोंट कोडू कारीट
कायदे जाले गांडू देखून
खिळ्यां खाटीर बंदे धीट

कोनशा कोनशार थुकता पापी
वण्टी घायांर चोळटा मीठ
बंदखणूंच बंदी जाली
सुटकेखातीर जळटा वीट

वाटो

हांगा पायांक फुटल्यात वाटो
आनी वाटांक फुटल्यात पांय
पांय वाटांनी , वाटो पायांनी
घुस्पत रावल्यात
मस्तीत दिको धाय .

कांय वाटांचेर तरातरांचे सुवाळे
कांय वाटांक तरातरांचे दुवाळे
कांय वाटांचेर निश्पाप कापले कुवाळे
कांय चोरवाटो , कांय पळवाटो
देव देवचारांच्योय कांय !

कांय वाटांनी लायली वाट
कांय वाटांचेर केले चाट
कांय मोडणांच्यो , कांय देगणांच्यो
कांयक अचकीत मेळटा खोलाय !

कांय वाटांक पोटाभुके वळवळो
कांय वाटांक पोटां वाडोवचो दुवाळो
पोटा भुकेर पडिल्लें पोट
भुके पोटार वाडिल्लें पोट
पोटांचोच ना निर्वाळो , ना गा ठाय !

कांय फुडल्या दारांच्यो
कांय फाटल्या दारांच्यो
कांय मजबुरींच्यो , कांय फुरफुरींच्यो
कांय खाजीर काडटा उपाय !

हांगा पायांक फुटल्यात वाटो
आनी वाटांक फुटल्यात पांय

कोणाक जाय वाट ही
कोणा कोणाक जाय ?
कोणाक जाय वाट ही
मरणा मरणाक जाय !

मरणाक जाय वाट ही
फोंडां सरणांक जाय.

अती जालीं सवंगां

अती जालीं
आपलींच तांवडीं म्हणत
पांयांक दांवीं घालपी
कर्मकट्टेपणां !
अर्थहीण स्वाभिमानाची
घातकी फोंत.
स्वाभिमान सन्मानाची पावणी !
हाचें ताका, ताचें हाका
असलीं पुलितकां !

अती जालीं
मनां मनां चोखां पोफेवपी
चवक धवळेपणां.
म्हज्या आज्यालीं वारा जोतां
(हांव भीक मागून खातां !)
असलीं फुकीं वातां !
विद्वत्तेची उग्र सिद्धताय
पांडित्य प्रदर्शनां
खूब जालीं श्रेय ओरिएंटेड संमेलनां !

अती जाल्यो
जित्या मड्यां नाड्यार
पोक्यो फटाशो !
आयत्या विळांत रावतल्यांच्यो अपुरवायो
जांणी आमचें खोर्न पेटोवन
फुलोवन खाल्ल्यो ल्हायो !
अती जाली
गळिल्ल्या जांगडावेली

वेगडी मिजास !
कंपू - कुंपणां....
तोंडार मिरयो घालून हांसप
फाटल्यान तासप...
असलीं हलकटपणां !

अती जालीं
नाका थंय , नाका तांची अपुरबाय
जाय थंय दोळ्यांर पाती
कानार केंस
तत्वांकय चुट्टी लाय.

खूब जालीं सवंगां
आतां तरी हें सोडया
ना जाल्यार एक दीस
वऱ्यापैकीं घाणटले
मागीर कितें ?
खाडाक उजो लागलो तरी
जाणट्यांची मिरास मिरयत
कुले खरपीत वसतले ?
शी !.. थू ऽऽ
आमचे अकले ! !

झूल - झुल्लार

झूल झूल झूल झुल्लार
कोणय गाया मल्हार
पनवत गावणी वट्टयार
शिश्टाय पासली तिट्यार
धूल्ल रांपला धुल्लार
झूल झूल झूल झुल्लार
कोणय गाया मल्हार

कोणा नागड्या पांयांर
दुवळे कुडीचो भार
रिती कट्टी हातार
चल्ला दारा दारार
जाल्या खर दनपार
"कर कर कर उपकार
कोणा देवा नांवार"
कोण जालो विरार
कांय गावलें ना भिकेर
एका धेंगशा वगर

कश्ट करप्यां नाड्यार
फाडे मारून फाड्यार
शायन हाडली वंगल्यार
पोर काश्टेक लाचार
वेंतभर मेळना वोंतर
धापूंक वशाड लजेर
गूंड सुरक्षी थळार
सज्जन भोळे गोळार

वैल मदेले शिरेर
वोंडेर जाले कुवेर
चमचेय फुगले उवेर
गांयडोळ सोरपा वडींर
धर्माच्या नांवार
अधर्म गुरवार.....
"अंदर की बात अंदर"
कायदे जाले फातर
भुकेर चोरली भाकर
ताची दींड गांवार.

भौस भड्डता दांत्यार
दये माये जुगार
जिणे लागल्या घरघर
हल्लो जनते गल्ल्यार
वॉलार खोंट तशी नाल्लार
धूल्ल उडला धुल्लार
धूल्ल उडला धूल्लार
झूल झूल झूल झुल्लार
कोणय गाया मल्हार

बर्थडे

“हॅपी वर्थडे टू यू ऽ !”
वयर फ्लॅटांतल्यान
भुरग्यांचे उमेदीचें भाण फुटिल्लें
केक, कॅडवरी, आयसक्रीम, कोला
सगळें सगळें चलतालें
तेन्ना - - - - -,
सकयल खोपींत वसव्वाचें पारू
भाकरेक रडटालें !

पारू पिंजके खोमशेन
वाडगो पुसतालें
तेन्ना - - - - -,
फ्लॅटांत वर्थडेचें वाय
नवे मोदींचें फ्रॉक न्हेसतालें

भुरगीं खोशेन ताळयो पेट्टालीं
थंय सकयल वसव्वा
थपा थपा भाकऱ्यो थापताली
ल्हान पारू, कुकूले भुकेर रडटालें,
तेन्ना - - - —,
वयर फ्लॅटांत वोमाडे फुट्टाले

“हॅपी वर्थडे टू यू ऽ !”
भुरगीं झिगी न्हातालीं
.....तेन्ना चुली उजवाडांत
पारूचीं दुकां चकचकतालीं
वयर फ्लॅटांतलीं भुरगीं
आवय वापायच्या केसांत झिग सोडटालीं
तेन्ना सकयल वसव्वा
निगतीच फाट तेकयत
माथ्यांतली रेंव फाफुडटाली.

काळजा घाय

तीन फातरां रांदनीर
आलमीनचो चेपटो तोप खतखतताले
ताची रांदन, तोप
आनी तोच उपाशी
जिणेक ताचे कितलीं चेपां !
तोपच ताची गवाय
अख्खो दीस माथ्यार फातर
आनी आतां, फातरार तोप !
उबो दीस, उबे कुडीर लासलो तेन्ना,
हातार पडिल्ले जोडीची पेज
रांदनीर शिजताली ....,
रांदनी उज्यांत
जितो ताल्लो भाजूंक घाल्लो
ताल्ल्या माथ्यार
इंगळेच इंगळे, फातरावरी
आनी आंगा - पांगार उजो
ताची नदर भिरभिरली
दीसभर वताचे रांदनीत करपल्ली
आपलीच कूड ताका येवजली
ताचे काळजा घाय चरचरीत उसवले
रांदनीवेलें शिबें थरथरलें ......,
तोपाचेंय हड्डें भरून आयलें
आनी पेजेन, भरिल्ल्या उमाळ्यान
घस्स करून इंगळ्यांचेर घालून घेतलें,
तेन्ना - — - ,
इंगळ्यांचेय काळीज चर्र जालें
पूण - - - -,

खिणांचे लकणेंत
कांयच घडूंक ना ऽ शें करीत
उसवल्ले घाय ताणें
तडा ऽ तड शिंवले
संवयेच्या दावणान
पयसुल्ल्या आपल्या दुदा पोरा यादीन .

दाखलो

असो सांवर - सांवार
वोंड फोडून पुता घालो गांवार
पुता पुत्रलाभा जायरात ना .
सोयऱ्या भायऱ्या वरात ना
पूत दारांत ना , घरांत ना
पुता वारशा सटये रात ना
पुता रडें अशें
पुतासैत वाऱ्यार सैरभैर
पुता पावणे ना , खेळणें ना
दुधा , माये पाने ना
पुताचो कोणा सुयेर ना
पुता कोणाचो आहेर ना
पुता गांव ना , नांव ना
आडवाटेन जल्म ताचो
पुता आडनांव ना
फळोवपाची खाज कोणा ?
खाजीचें फळ कोणा ?
उलोवप्यांची हजार तोंडां
पुता भुके पडलां कोणा ?
पुताक जल्मा दाखलो ना
नक्षत्र ना , योनी ना , रास ना
कांय ना , कांय ना

पूण नियतीनूच दिला दाखलो
हय , ताच्या नाडयार
पूत जिणे शाळेंत शिकतलो .

नर्सेंतली दशा

वयर फ्लॅटांत
चिय ऽ ऽ र्स चालू आशिल्लें
भुरग्यांचो कलकल
चिकन हैदरावादी
वातावरणांत घमघमतालें
तेन्ना - - – सकयल खोंपींत
वसाप्पा घाटी
सुके भाकरेर मुळो चावडायतालो
वेल्यान तांवयो भर
उदक घोंट्टालो
इल्लें, कुट्ट करून
दिसभराचो शीण देंवयतना
मनमेकळायेन गायतालो ...
तेन्नाच अचकीत
कोणें तरी येवन ताचेर फुलयलें,
"आमकां न्हीद पडना
आड्डता कितें ?"
रांदनीच्या उजवाडांत
वसाप्पान ताचें तोंड पळेलें
दुसऱ्या एका फ्लॅटांतलो
दुसरो 'पात्राम' आशिल्लो
हाताची खाज भागयत
पात्राम वयर गेलो
ताचे वरावर ताच्या तोंडाचो
प्रतिष्ठीत सोऱ्यावासूय
विल्डिंगेची सोपणां चडटालो

आतां, त्या फ्लॅटांतली
वर्थडे पार्टी नेटार आयल्या
कोण आड्डता, टिवी चलता
कॅसेट प्लेयर चलता....
..... चिय ऽ ऽ र्स !
वसाप्पा हांतरूण घालता
ताणून दिता.

लोकण गेता बाई ऽ ऽ !

लोक ऽ ऽ ण गेता बाई ऽ ऽ
पत्रे ऽ ऽ गेता बाई ऽ ऽ
लोक ऽ ऽ ण !

ती चलत आसा
पोराक हांडीर मारून
लोखंड फाटीर मारून.
"लोकण गेता बाई ऽ ऽ
पत्रे गेता बाई ऽ ऽ
वटाट दिता वाई ऽ ऽ
लोक ऽ ऽ ण !"

सुणीं फाटीक लागतात
भूं ऽ क , भूं ऽ क !
सुणीं जीर्ण मळके साडयेचो
फाळोच ओडून काडटात
तरीपूण ती,
फातर उवारिल्ल्याचें
नाटक करून
सुण्यांक भेंकणायत
मुखार चल्ल्या.

लोकऽण गेता बाई ऽ ऽ !
पत्रे गेता बाई ऽ ऽ
आतां मनशां फाटीक लागतात
'थू ऽऽ ! थू ऽऽ !
"दिसा अशीं येतात, रातचीं चोरतात."
कोण तरी गाळी संवता
तरी ती मुखार चलत रावल्या

पत्रे गेता वाई ऽ ऽ !
लोक ऽ ण गेता वाई ऽ ऽ !
गाळी गेता वाई ऽ ऽ !
धेंगशे गेता वाई ऽ ऽ !

भिकारी

त्या डवक्या खातोणांत
मूस जंय रोंव रोंवतात
थंय तो भिकारी
जीर्ण कालसांवांभितर
हात घालून
कितें तरी कालयता.
देखून तुमी ताका हांसतात ?
चार आणे भीक घालून
करमुक्त मनां रिजयतात
एक दीस पायपलायन फुट्टकच
पळेयात, तुमची कशी फुट्टा ?
म्हारगेले सावण लावन
दिसान दीस
कुडीच्या खाचोणांतलो मेतो
धुवन काडप्यांनो !
चार दीस
तुमी त्या डवक्या म्हऱ्यांत
न्हाय नासतना वसून दाखयात !
घामा पांवळ्यांनी
वता रखरखार, धूल्ल खायत
एकेच चड्डेंत
आठ दीस काडून दाखयात !
पुळेरांनी दाट जाल्ली कात
खाजयत वसात
मागीर तुमचेर हांसूंक ताकाय आपयतां
तो हांसतना, तुमकां तो भिकय घालचोना
तुमचो हांसो तुमचेरच चिरपतलो
तो कितलो भाग्यवान !

पावसा, आसोर कर

पावसा ऽ ऽ !
मात्सो आसोर कर रे बाबा.
एक कील तांदूळ
खारें (सवायशें)
पाव कील कांदे
सावण
चलये विस्तिदा आल्पिनी
दम्याच्यो गुळयो
चप्पल तुटलां तें लावप
पयशे उल्ल्यार आयज तरी
पोराक रंगपेटी व्हरूंक जाय.

पावसा ऽ !
हें सगळें तुजेर आसा.
उपकार कर
काल दीस रात वसून
विडयो वळ्ळयात
तिशेक दुकानांनी भोवूंक जाय
थोडयो पेडाकडेन वसून विकूंक जाय.

पावसा ऽ !
मात्सो आसोर कर.
पोरान सकाळीं
फुटी चा घेतल्या
एकूच सत्री सरी सुटिल्ली
तीय हांव घेवन येयलां
रांदनीर आदन दवरून
घरकान्न तांदळांक रावल्या.

पावसा ऽ !
असो झडूं नाका सायवा

पावसा ऽ !
सगळें तुजेर आसा राजा
तूं फकत आसोरूच कर
फुडलें हांव पळोवन घेतां
कशी तरी हांगा थंय
गिरायकां सोदूंक जाय
थोड्यो पासयेर वसून विकूंक जाय.
बाकी कितेंय जावं
कशेंय जांव

निदान एक कील तांदूळ तरी
घरा व्हरूंकच जाय.
पावसा ऽ ऽ !----

पावसा रे !

पावसा रे !
असो चाळोवं नाका
भावनांचेर असो शिरशिरूं नाका

तूं शितोड्यांनी शेंसार मारता खरो
निर्मणेच्या पिंडाक स्फूरण दिता खरो
पूण पळय...
वारो वावझडी येयल्यो
खोपीचीं आसलीं तींय चुट्टां हुवलीं
पोवून पोवून भितर खातड जाल्या
पेज इल्ली आसली, तीय पातळ जाल्या.
तपल्यांत हुंवार येवन
कुंयांय खंयचे खंय नाच्च जाल्यांत
पोरां उक्ताडार कुडकुडटात
घालपाक-पुसपाक सुकेंशें कांय उरूं ना

पावसा ! मात्सो राव
पयलीं हें सगळें जाग्यार उडयतां
मागीर तुज्या सौंदर्याचेर
वज्यो ऽऽ कविता बरयतां

पावसा ! एक वसो असो दी

पावसा ! एक वसो असो दी
ठांय ठांय म्हेळ जाला
व्हाळून व्हरूं समूळ सगट
वावझडींचें बळ दी .

पावसा ! एक वसो असो दी
पोरां तारां जळीं - मळीं
नागडीं ताडां उत्ताडार
पोपटी फोडून लज धापूं
घसघशांचो ध्यास दी .

पावसा ! एक वसो असो दी
शेतां भाटां वांझेल्यांत
चरव - मेरो भेंवेल्यात
जिणे , चंवरां शिंतोड करूं
मळवा येदो पोसो दी .

पावसा ! एक वसो असो दी
नदरे दोळे - ताने ताळे
तळतळटीं तळपां जाल्यांत
हड्ड्या तांच्या शिळक्यो फोडूं
दडकां येदो शिसो दी .

पावसा ! एक वसो असो दी
पातकांचें रेब जालां
कुशी - माशी भ्रश्ट जाल्या
लोटून व्हरूं समिंदरां
एकवटांचे व्हाळ दी .

पावसा ! एक वसो असोय दी
तुजेवरी धर्तरेचे साणीर घांसून
चंदनान जिणे भरूंक
हावेसांचीं जोगलां दी.

पावस तिंवळयो

पावसाळी मळव
गुरवार आसा
दुवाळ्यांचेर घुंवळत आस

❑

पावसाळी मळव
पोट वाफार करून रावलां
गडगड्यां वायान गुडगुडलां

❑

पावसाळी मळवान
खूब सोसलां
वावझडींच्या हुंडक्यांनी रडलां

❑

पावसाळी मळव
जीर्ण जाली सत्री
तांतल्यान पावस झिरपला पिरी पिरी

❑

पावसाळी मळवान
सगळो वारो चेपला ?
काय वाऱ्यानच मळव हुवलां ?

पावसाळी मळब
गडगडयांचे गर्नेल आनी
जोगलांचे बाण मारीत उल्लां.

❑

पावसाळी मळब
दडकांच्या बाणांचेर
भीश्म जावन न्हिदला.

जल्म

फांत्या पारा
शेवण्यां भिरीं भिरभिरलीं
दिकां दिकांनी
उमाळ्यांचीं तरंगा फुलयत
पाखां पाखांनी
सकाळ जाली आकूळ पिकूळ
दीस जालो खासावीस
सांज म्हजीं दुख्खां व्हिलीं
आनी रात मात चकचकली
मेत्रा मेत्रांनी नेखेत्रांनी
हें अशें अदीं - मदीं घडटा
सूर्य भर कडार
चंद्रिमाचो अवतार घेता
मळवाकय मोगरे कळे फुट्टात
देखून आत्र्या पयऱ्यान
ह्या जित्या मड्याक
नवो जल्म भेट्टा.

सरण

मेल्लीं सुकीं लाकडां
भर सरणार
एक कूड घेवन जळटालीं
तेन्ना - - - - -
कुशीचीं जितीं झाडां उलयलीं.....
"तुमी मेल्ल्या ल़ाकडांचें
सरण करून
स्वता मोक्ष जोडटात?
काय
आमच्याच मेल्ल्या लाकडांक
सरण जावन पेट्टात ?"

पुरुमेंत

पुरुमेंताच्या फेस्ताक
सोलां घेतलीं
मिरसांगो घेतल्यो....
कांदे घेतले.....
दोवले घेतले...
चण्यांची याद जाली,
तेय घेतले.

घेवपाचें सगळें घेतलें
कांयच दवल्लें ना.
पूण म्हजें भुरगेंपण..
जंय चण्यावासांत शेणलें
तें मात सोदूनय मेळ्ळें ना.

असलो कसलो पुरूमेंत हो ?
आनी कसलें कितें
....बाकी जिवीताचें फेस्तच जालां.

माया

एक नातू आज्जेल्या साम्राज्यांत
मेकळीकेन खेळटना
आदळून पडलो
आज्जेलो माणकुलो सैनिक
घायाळ जालो .
तरी नातू आज्जेल्या साम्राज्यांत
सैनिक तोऱ्यानच खेळत रावलो
पुता निमतान नातवा आवय
आज्जे आंगार किळांचली
टिपीकल सुने अवतारान !
आनी तेन्ना मात
नातवा दोळे भरून आयले
पूत थांवना , आवय थांबना
बऱ्यावेळान ... आज्जे गोपांत
नातू केन्ना थांवलो
कळ्ळेंच ना .

पुता आवय !
माया ही फार्मासींतले चिंवे इतली
सवाय नासता
थानांक तुज्या फुटले दुदा झरे
पूण थानां पोंदच्या काळजाक मात
कशे फुटले ना गे चरे ?

पुता यो

पावस आयलो
येवपाचोच आशिल्लो
पूत गेला जोडीक
पय ऽ ऽ स येवरोपा
वचपाचोच आशिल्लो
म्हातारी खोंप कुडकुडटा
जाण्टेल्यांच्या दाडवणांनी
आनी . . .
हुस्क्याचें वजें माथ्यार
मणां मणांनी
म्हातारी पावल्या धडेर
चितता . . . कोण पयलीं कोसळटा ?
खोंप काय आपूण ? . . .

. . . पुता !
बेगीं घरा यो
पुरो जोडलां तें
ख़ोंपीचें घर जातलें
तुज्या पिळग्यांक राखतलें
पूण . . . हांगा
हांवूच वरगेलां
म्हाका तुज्याच हातांनी
धगाक लावंक यो
पुता ऽ ऽ !
वेगीं घरा यो . . .
जिणेंतलो शिरवण आनी वसंत
मन भरून घेतलो

आतां . . . घेवचेलें कांय उरूंक ना
कोण्ण उरूंक ना
उल्ला फकत तूं
तूं नासतना येवपी मरणांत
आनंद ना रे !
देखून पुता यो
. . . घरा यो !
जीव दात्यांत सांपडला.

आवय

आयाव आवय म्हजी
अस्मितायेची अप्रूप गवाय
तिच्या दुधांत प्रथिनां
तिच्या पावलांनी
देखणी धालांचो झेत.
तिच्या काणयांनी
गोंयचो वासाळ वारो
तिच्या ओवयांनी
सुरागरांतलो झरो
तिच्यो शिस्तीच्यो वड्यो फाटीर
जशो शमेळीचे चाटीर
तिच्या ओटांत
पोफळां, पानांचे रंगलां कुळागर
तिच्या तिफळां हुमणांत
मेल्ली वांगुल्लीय जावंची जिती.
तिच्या भांगातलो कूकूम
दोन शेतांमदीं तांवडी वाट
तांवडे मातयेक फुटर्चीं पिसोळीं
तशी माथ्यांत तिच्या आवोलीं.
तिच्या दोन भुंवयां मदीं कश्टांचो घाम.
केन्ना खुरीस, केन्ना राम
एकय दीस वचना.
पाडकां - कुकडांक
लक्तुवायेन
गोंयच्यो गाळी संवल्या शिवाय
तशी आयाव आवय
अस्मितेची आनीक एक अप्रूप गवाय.

यादी

भावांनो , तुमी पोटाफाटल्यान गावांतरा
हांव उल्लों थंय उबेर तुमचे
म्हजें भुरगेपण काणलें रे
केन्नाय तुमी अर्दी - मर्दीं येताले
कश्टा हातांनी सासपिताले
त्याच धगार दीस दीस ताणले रे
दादा , तुवें आयुष्यांतलो गणभेस पयलो हाडलो .
जीर्ण खोमसाक तुज्या , गरीब दोळ्यांनी रडलों .
पिंदक्या कपड्या चुरचुरे तुवें तेन्ना वेणले रे .
हांच्यो पेन्टी तांचीं खोमसां गरजेक चडयलीं
ताई , मामा - मावशे दारां शाळा चिरली
केन्ना आईकडेन भुकेक रडलों तेन्ना मात
मन बापायक खूव ; खूब शिणलें रे .

तुतयो

धवडांचें लोखंड धाडायता
मेस्तांचे खिळे - वाशे थापटिता
तामणांचे कळशे - तांवये धाडायता.
शेटींचें भांगर पेट्टा.
हाच्या ताच्या उपकारा पावता.
सगळें जुस्ताक जूस्त
जाग्यार घालता.
तो तुतयो.......
तसो म्हजो दादा.
सदळ-विदळ तें घट करीत रावलो.
घराव्याचे अवतिकायेचीं
चेपां काडीत रावलो.
वाकडें तें निटायेर
हाडीत रावलो
हाका ताका आकार दीत रावलो
वेळा प्रसंगार
घणाचेंय काम करूंक धडपडलो
चुकून कोणाच्या हातार पडलो
तेन्ना गाळीय खायत रावलो
चार खांवल्यांच्या घराचे
वाशे ,कांवी , फळयो
सदळ जाल्यो तेन्ना तेन्ना
घट करीत रावलो.
धाडवतां धाडवतां
नकळटना स्वता कितलो फुटलो
हाचें भानूच विसल्लो.
आतां... केन्ना केन्ना तो

आंग चोरून
पेटलांत वग्गी पडिल्लो आसता.
आतां ताकाच घटायेर हाडूंक
एका दुसऱ्या तुतयाची
गरज आसा.
सदळ जाल्लो दांडो
काल्स मारून
घट करपाची गरज आसा.....
दादा ! तुजे मायेक थाव ना
उतरांचो गांव उक्तो केला
तोय ताका पावना.

तुका लागून

तुज्या कवितांतल्यान
म्हजेच उमाळे
तटतट्टना दिसले
तुज्या चित्रां - रंगांतल्यान
म्हज्याच कथा व्यथांचें
नातें दिसलें.

तुज्या उलोवपांतल्यान
हांव म्हज्याच मनाची तळी
उस्पिताशें दिसलें.

तुज्या तेजान
म्हज्या दोळ्यांतलें लाशें
कडटना दिसलें

तुजे नदरेंतल्यान
म्हाका म्हजेंच शार
लख्ख वरें दिसलें

एकलव्या !

एकलव्या !
द्रोणाच्या आश्रमाक
तुजी ॲलर्जी जाली.
तांणी आंगठो मागलो
आनी तुवें अचळय दिलो.
तांणी त्या आंगठ्याचें कितें केलें ?
पुरुशार्थाचेर दुभाव आशिल्ल्यान
इंद्रीय म्हण दसयलें ?

एकलव्या !
ते प्रवृत्तींतल्या एकल्याकय
तुवें केलें तशें जमलें ना
व्हडपण मिरयतना
व्हड मनान
तुजें दिव्यय पचोवंक कळ्ळें ना.

वायट दिसता
द्रोणाचेर वाण मारून
तुका घाय करूंक
जायत तो तुजेखातीर गुरू व्हड
पूण ताची ती चूक म्हाव्हड.

एकलव्या !
तुजो आंगठो वेणचे परस
अर्जुनाचो आंगठो व्हड करपाची धमक
त्या द्रोणान कित्याक दाखयली ना ?

द्रोणा कर्मा खबर आसुनूय
त्यो प्रवृत्यो मोन्योच रावल्यो

तेंच कर्म तुवें केल्लें जाल्यार ?
ते सगळे, व्यासाच्या वोचकुलांक धरून
आख्खें म्हाभारतच वदलून घेवपाचे.

एकलव्या !
तूं तीव्र इत्सेवळार स्वता शिकलो
आनी फुक्या सवाय त्या द्रोणाक व्हड केलो.
एकलव्या, सांग !
तो पुतळो खंय दवल्ला ?
ह्या देशांत, चुकी सुवातेर
चुकी पुतळे वसोवन
विटंवणा करपाच्यो चुको केल्यात.
त्यो सुदारूंक जाय.
दी तो पुतळो म्हजेकडेन !
ताचें कितें करपाचें तें हांव पळेतां.

उतरां

उतरां, जिविताचीं कातरां
लखख नकेत्रां
केन्ना मानपत्रां
केन्ना वोंतरां
उतरांत, भानगडी सतरा.

उतरां, दाखयता वाट
लायता वाट
सुखांचे पाट
दुख्खांची लाट
उतरांत, चक्क तशें काळें दाट.

उतरां, केन्ना रंगयाळीं
पचक मिळमिळीं
केन्ना रोगयाळीं
चिके वखदाळीं
उतरांत, केन्ना गिराण केन्ना दिवाळी.

उतरां, पेजाद केन्ना अरवळ
नितळ केन्ना भेसळ
मुसळ केन्ना कुसळ
सभ्य केन्ना शिंदळ
उतरांत, तरतर केन्ना दुकळ.

उतरां, अखंड केन्ना पोकळ
पावस केन्ना ओखळ
शांत केन्ना वादळ
घट केन्ना सदळ
उतरांत, उतरांचोच घुस्पागोंदळ
उतरांचोच घुस्पागोंदळ.

उलो

चलात उठात !
हातांत विन्नीं कुट्ट्यो घेवंया
वांकड्या तिकड्यांक सुतार हाडुंया चलात उठात !
हातांत खरवती घेवंया
नसतीं धुडां कातरून उडोवंया
चलात उठात !
हातांत किसळी घेवंया
आवड-दाबड किसोवन काडुंया
चलात उठात !
हातांत कटावण्योय घेवंया
खेटां - खिळे कोचून काडुंया
चलात उठात !
हातांत तासण्यो - खोलासण्यो घेवंया
मातिळ्ळ्यांक खापावन - तासून काडुंया
चलात उठात !
आतां आशण्यो दिर्वे घेवंया
भेड्ड्यांच्या कानांनी वुराक मारुंया
चलात उठात !
आतां कामठींच भुजांर मारुंया
मेंग्यो जिवो पाजून काडुंया
थंड हातांक धारो काडुंया
मगरुरांची कारागिरेन जिरोवंया
चलात उठात !
आतां शस्त्रां फाटीर मारून
सगळेच खांपे मेस्त जावंया .

दोंयतिकाय

कित्याक म्हण हांव
काळीज वेठें फुगार करूं ?
कितले दीस म्हण
उश्णें हांशें पिकयत धरूं ?
आनीक कसो वेदनांक
भावनांनी थातारूं ?
अशीर मेरेर
कितलो तरी तोल धरूं ?
पाळ जावन तांचे पिडे
कितलो म्हूण झरूं ?
सांग मना सांग
तुजें जुवळें भावंड
तुका साद घालता
दोळे फुडलेवटेन रडचें सोडून
फाटले वटेन रडटात.
त्या दुकां धगीन
काळीजय कडटा.
उठ मना उठ
हे मना !! उठ
आं ! ? मन अशें थंड कशें ?
कितें ! ? मन मेलें ?
जालें. दोंयतिकाय सोंपली
आरे ऽऽऽ रे ! आतां कितें करूं ?
त्या मेल्ल्या मनाचें दूख्ख धरूं ?
काय ? ....

कवनी रोकेटां

रोकेटां
मळवा पोट चिरीत गेलीं
मळवभर
कुपांचे थापे मारीत गेलीं

रोकेटां
शिसपेन्सीलशी
मळवाच्या कॅनवासार
रेखा - चित्रां काडटात

रोकेटां
कुपांचोच घट जाल्लो कुडको
केन्ना पारय जावन
धर्तरेवटेन तोपून येता.

डायबेटीस

हालींसरा ताची
डायबेटीस वाडिल्ल्याक
ताच्या घराभोंवतणी, घरांत
मुयो - काटमुयो
दोमळेच दोमळे
धुवां - पुतांचे, नातरां - भाचरांचे
जांवया - सुनांचे, भयण - भावांचे !

ताणें वरेंच काळींग केल्लें
उशेलाचे मळे आशिल्ले
साखरेच्या कणाकणांचो वांटो उखलूंक
आयिल्ल्या दोमळ्या - मुयांक
खंयचीच डी. डी. टी. वादना
कारण डी. डी. टी. खावनय
जगप्यांच्या जमान्यांतले जीव ते !

अजाप एकूच दिसता
जिवीतभर हाका नागय - ताका फटय
फोंडांत घाल - पिळून खा.
अशा कारात - कोडू मनशाच्या रगतांत
साखर जालीच कशी !

मोटार

“ तांका नाडून
इतलें सुतलायलें
कमीशन काडलें
तांचे फ्लॅट खपयले
इल्लें सुटलें
देखून आमचें मोटारीचें
सपन पुराय जालें !

घोव उलयतालो
आनी ती
आपल्या चाप्टर घोवाच्या कर्तुवांचेर
आंग मोडीत मुरगट्टाली.
तेन्ना घराभायर
वण्टींक कान दिवन
ती मोटार
जल्मा घालतल्याक रडटाली
आपल्या पोटाक पेत्रोल तरी
स्वकश्टांचें घाल्यार पुरो
अशें म्हणत हुस्को काडटाली.

... आनी आमी ?

कमरभर उदकांत आसतनाय
काश्टी सुकी दवरून
तांणी थिगूर फारायले
मान-धन, धन-मान
आपले पध्दतीन जोडीत रावले.
आनी आमी !?
वॉटरप्रूफ काश्टी आसतनाय
चिप चिपीत भिजले
सरळ आसून वऱ्यांतले घाणले.
आमी दोंगर पोखरून
हुंदीरय काडूंक पावले नात.
जावं, यशान कॅट केलें खरें
पूण कांय अपेसांचेरय
हड्डें फुलोवन जगपांत
केदो आनंद आसता न्हय ?

थिगूर लेगीत थुकलो
तांच्या चिखली कर्तुवांचेर

आनी कितें जाय ? !

जेजू

कोणें एकल्यान
तिचें वायलपण तृप्त केलें
तिचे इत्सेचें नखेत्र लूप्त केलें
सुये नाडो थीर म्हण
सुता कामायण सार्थ केलें
सगळें खवर आसूनय ताचें
हेंय जैत, तेंय जैत
जायत्या जाणांक उस्तऱ्यां गेलें
ताचो पुरुशार्थ तांकां पचलो ना
देखून ताका चेचावंक धाडावंक
ते संद घेवन फुरफुरले
तेन्नाच जेजू थंय ताकतिकेन आयलो
म्हणूं लागलो,
"तुमचे मदीं जाणें पातक करूंना
ताकाच फातर शेंवटुपाचो अधिकार आसा."
तरीय आसतना
त्या (प्रतिष्ठित) पातक्यांनी
भीड मुर्वत धरिनास्तना
ताचेर धडाधड फातर शेंवटिले
सामके निलाजरेपणान,
हें पळोवन जेजून म्हळें,
"हे परमेश्वरा ! तांकां माफ कर
ते नकळ कितें करतात तें"
... अशें हांव हे खेपे मात म्हणचों ना
फाटले खेपेक म्हळें, तें फावलें.

उश्टें

कितल्या दिसांचे
पयसावणे उपरांत
अचकीत तीं भेटलीं
एके चाटींग वेलीन
परत आदल्या रुखाक
वेंग माल्ली
चार पापण्यो
टींव टींव गळयतना
ताच्या दुकाचो
एक प्रामाणीक थेंवो
तिचे गाला खळयेंत
झिरकलो .
आज लेगीत ती हांसता
ताका खूब कितें लिपोवंक म्हण
आनी तो शिर्शासनी दोळ्यांनी
काळजार 'अभिशेक ' करत आसा
हाताक उश्टें लागलें म्हण .

चली गे चली

धिक्कारा, धिक्कारात !
तिका विकऱ्या वस्त करप्यांक !
तोडून काडात तीं
नारी किंकोर्ती
रिवाजांचीं गाठवलां
मारात शेवटून
नारी हिणावणे परंपरेचें येरवणें
गळ्यां फुलां हार घालून
वाट्या तिच्या हार नाका !
नाकांत तिच्या नथ घालून !
नाकच कातरूं नाकात !

चली गे चली
केन्ना कोणा दिली ना
कोणें केन्ना व्हेली ना.
तिचेकडल्यान व्हेलें सगळें
तिणेंच उपाट दिलां
विकृतीच्या खातोणांतल्यान
मुकाट्यानी भायर सरात !
न्याय करात !
सत्य केन्ना थावन दोंगरापोंदा चिड्डुलां

शून्य हिशोब

रित्या कळशांचो हिशोव कित्या लावं ?
शून्य हिसवाचें कवन कित्या गावं ?

यत्नाचीं रत्नां काडूंक दर्या घुसळ्ळे
विस्वासा वेर घालून सगळें फासाळ्ळें
वांझ दर्याक कान कित्या लावं ?
शून्य हिसवाचें कवन कित्या गावं ?

नवलांचो दर्या हुपूंक तार मेळयली
धक्यावेल्या धक्यार कोणी शिडां पळयलीं
जीर्ण शिडांक थिगळां कित्या लावं ?
शून्य हिसवाचें कवन कित्या गावं ?

परपिडे पाळ जावन जीण झरयली
उपकार श्राप जाले, रीत जिरयली
हुलपी जिणेक श्राप कित्या जावं ?
शून्य हिसवाचें कवन कित्या गावं ?

राती

एक रात
विरहाचें दूख्ख घेवन जळ्ळी
एक रात
सुरंगां यादींनी परमळ्ळी

✷

रातीं
एक काळोख आयलो
आनी
असंख्य पापण्यांनी लिपलो

✷

एक रात पुनवेची
धर्तरेर दूध उसपिता
एक रात उमाशेची
कुड्डी जावन सांसपिता

✷

फांत्यार, एके रातीचें मरण पळेलें
दिसाच्या सरणाचेर
तेच रातीचें प्रेत
जळटना पळेलें

✷

एक रात मळव कामरून
सूस्त न्हिदिल्ली
एक रात
मळवाचे ताटलेपोंदा दंवार शिजिल्ली

*

एक रात पुनवेल्ली
दोंगरा आंवाड्यांत
चान्न्या फांती माळटाली

दर्या रे

दर्या रे ऽ ऽ
तुज्या अथांगाक
सात सुरांचो हार
जिणेच्या ह्या तिरा तिरार
ल्हार येता सतारीत झंकार

दर्या रे ऽ ऽ
तूं युगां - युगांचो
तारवट्यांचो आदार
जिणेचेर जैत जोडून
जगल्या हांगचे रांपणकार
काळीज उस्पिलां दीत रावला
दानार दान
व्हल्याच्या तालार
सूर दिला ओ ऽ रे ऽ सा ऽ ऽ
सा ऽ रे ऽ सा ऽ ऽ
ल्हारां ल्हारांचो
आलाप येता, घरादारार

दर्या रे ऽ ऽ
तुज्या आंगा पांगार तरला
तार्या रे
व्हडें आलतडी, घडी पलतडी
व्हलयता चलयता
तुज्या धिरार
सुखी संवसाराचो भार
तिनय पारा, खोशे ल्हारां
घरा दारा मेळय रे

कश्टाचे कुडीवेलो
आळस आनी
शीण खिणा गळय रे
पिडा आनी नडी वडी
व्हाळून व्हर तडये पार

तिंवळ्यो

वळींचे माचयेर
व्याकरणांच्या माटवांत
उतरां वेगवेगळ्यो भुमिका रंगयतात

❑

न्हंयेंतली उपाट फेरीवोट
धक्यार येवन मोकली
आनी रक रक रकली .

❑

देगेवेल्या ल्हव फुलान
अळंग उदका पोट चुमलें
थंय तरंग गालभर हांसले .

❑

दिगंते शक्तीन
काळोख अख्खो भकलो .
आनी उजवाड भकाभक ओकलो .

❑

मनमाची

पापण्यांचो पड्डो वयर सरलो
नांदी रंगली
रंगदेवता पुर्णांगान शिरंगाल्ली
कण - कण जागोवन गेली
आयजय जागय - गाजयता
पूण आतां ...
काळजाचो एकताल
मात्रा चुकूंक लागला.
आरोह - अवरोहांचीं, आवर्तनांचीं
कितलीं पर्तवणां जालीं
कितल्यो घडणुको
नवलायो घडयत गेल्यो
दुकां झडयत गेल्यो
कितले पावट डिमर हाल्ले
स्पॉट भंगले, केन्ना बरे रंग शिंवल्ले
कितलीं पात्रां, धुमशेणां कांडीत गेलीं
उमळशीक दुगुणायत गेलीं
मुखामळाच्या वृत्तपत्रांचेर
दोंयतिकेचीं समिक्षणां
चंवाट्यार मांडीत गेलीं.

पूण माची बदली ना
" Show must go on '?
भितर्यो धग पेटयत गेली
खंयच्यान तरी ताळे सरांटले
पड्डो उडय ! मनमाचये !
पड्डो उडय !
आनी सा ऽ ऽ कर

तो घोळ गुंतीचो बाजार
सगळें अर्थहीण
दुश्ट खिणांचे मीण
पूण माची थतर - विथरली ना
तरीय, पात्रांचो सांवर - सांवार
चालूच आसा
हां ! . . .
आतां वाद्यवृंद तेंगसाळटा
जीद्द नायकान कोणाचें तरी
पेंगट मोडलां . . . . आनी
सर्वांगाच्या तर्फातल्यान
गाज येवंक लागल्यात
जीद्द झिंदावाद ! झिंदाबाद !
(माचयेर ल्हव् ल्हव् धादोसकाये
उजवाड)

फ्लॅटांतली दिवाळी

फ्लॅटांतली दिवाळी
शेण शितोडों नाशिल्ली.
भाणांत उदक नाशिल्ली,
केन्ना काट्टांय नाशिल्ली.

फ्लॅटांतली दिवाळी
वयर गॅलरींत रावून
सकल नरकासुराक
टाटा ! बाय् - बाय् ! करपाची.

फ्लॅटांतली दिवाळी
आपलेच गॅलरींत
भावकेचे आकाशदिवे लावपाची.
आनी दारावेल्या आय - ग्लासांतल्यान
येतल्या वतल्यांक
दुवावान पळोवपाची

फ्लॅटांतली दिवाळी
गॅलरींत, स्नेहभावा वाती लावपाची,
आनी दारां बंद करून
आपले पुरतीच
रेडीमेड मिठाय खावपाची.

फ्लॅटांतली दिवाळी
समाजीक मजा फ्लॅट करून गेल्ली
दिवाळेची खोशी दारा दारांनी
लॉक करून गेल्ली.

हाय रे देशा

म्हज्या आयच्या घरांक
बाँब गुळ्यांच्यो बुनयादी
बंदुकांच्यो वण्टी
आतां संगिनीचेर झिरकल्यात
हुतात्म्यांच्यो फकत यादी
म्हज्या आयच्या घरांक
तलवारींचीं पाश्टां
चाकू सुरयांचीं तोरणां
तरसादींचीं मखरां
मखरांनी दसल्यांत
खर गुंडांचीं चित्रां
म्हज्या आयच्या घरांनी
गोळा लागले जीव जिवे
तेच जाले दिवे
ॲसिडांचें तेल
शिरो जाल्यो वाती
हांगा मसुंड्यांनी, कबरांनी
दर दिसा माती पोखरतात
म्हजीं नातीं
म्हज्या घरा सुयेर उणें
सुतकां चड
दळदिरे भौशीक जिणेंत
मरणांचीच खातड
म्हज्या आयच्या घरांनी
टायम बाँबांची टिक - टिक
काळाची घड्याळ, उरफाटे कांटे
जिलेटीनच्यो वाती, उजवाती

म्हज्या आयच्या घरांनी हुलपल्या
जिव्या कुर्डीचे वळी
त्या गोवरांची रांगोळी
म्हज्या आयच्या घरांत
जण एकलो थंडेन हुलपता
वतांत कुडकुडटा
हाय रे म्हजो भारत! म्हाजाळांत फडफडटा!

हे माये

हे माये अस्मिताये
तुका ही होरावणी
उर्बा दिणी अमृतवाणी
जैतिवंत कोंकणी.

तुज्या ऽ शिरंतरा
शितळकाये कुळागरां
मांडवींत जुवारींत
चैतन्याचीं ल्हारां
धाय दिकां सरुपाय तुजी
जागयता गे वसुंधरा.

तुजे दिव्य सासायेन
जिणे तेज दिलां
आत्मविस्वास जागयत
तनां मनां घटाय दिल्या.
तुजें संगीत केळोवंक
घोळय गळ्यां सातसुरां

आत्म्याचें सत्व आमकां
तुजे कृपे होलमलां
मना आंगणां परमळूं
सूर्य वंशी फुलां
रिगय तुजी संजीवनी
जंय जंय थळां
पावल्यां तुजीं मुळां.

स्फूर्त माग

धाय दिकांनी पेटून उठलें
सुटके झुजाचें मालें
भारत माये राखणे खातीर
मरणा तिबे लावन झुजले.
माग भावा माग
त्या त्यागांत स्फूर्त माग
जंय रगतांत न्हाली
जालियनवाला बाग -

शेतांतुल्या कणसा - कणसांनी
मशाली रे पेटल्यो
खंबिरांच्या नेतृत्वांत
सेना नेटान उठल्यो
माग भाव माग
ते सोंसणिकेंत स्फूर्त माग
जंय झडून गेले
आयावांचे सुहाग -

फोडून काडपी नार ती
गोवालिया टांकी
फाटीर मारून दुदाबाळका
कोण झांशी राखी
कोण चन्नमा दुस्मानांचेर
शस्त्रां - अस्त्रां मोखी
माग भावा माग
त्या रगांत स्फूर्त माग
जंय नारी कुडींनी
पेटले दुर्गे राग -

इतिहासाच्या पानापानार
हुंडके उमाळे फुटले
देशप्रेमा वागेंतुले कळे कोणे खुटले
जाग भावा जाग
त्या अस्तित्वा झुजाक जाग
जंय हुतात्म्यांच्या संवसाराचे
ओले दुकांचे दाग

घट्टण पुराण

अशें हो राजकारण
चल्लां समाज घट्टण
शेळ्या शितार व़रण
दर घडी -   ॥ १ ॥

भौसा हिता कार्यावळी
पोन्नीं भाशणां भुरावळी
व्हेज - नोनव्हेज भुसावळी
ठो ऽ ठो ऽ फो ऽ ! - ॥ २ ॥

निराधारा आदार केले
आयतें श्रेय व्हेलें
गरिबालें प्रदर्शन केलें
छापून फोटो   - ॥ ३ ॥

सत्तेवेळार आपलेच दिसले
वेचणुकेंत भौस सुचले
भौसाकूच भाजून खाले
सोयऱ्यांच्या भल्या - ॥ ४ ॥

कोणाल्याय मरणाक वता
भुजवणा सवंग घेता
दोळ्यांनी दुकां नासता
आसता मतां - ॥ ५ ॥

प्रसिध्दी घेवप भपक्यांनी
लूट मारप चपक्यांनी
चाटी चोळख्या चोळख्यांनी
जनतेचें मणगणें - ॥ ६ ॥

लोकांकडल्यान घेवन दान
घालें लोकांल्या पोशांत
जोडली मेजावेल्या केळ्यान
सोयरीक फुकी - ॥७॥

कायद्याचे मंत्री जे
करी कायद्याचें भजें
भ्रश्टाचारा वजें
गरिवांच्या वोडार - ॥८॥

स्वातंत्र्याच्या दिसा
"वन्दे मातरम्"ची भाशा
पोखरून खाती देशा
हेच नाडींग - ॥९॥

म्हारगाय मारून कोंक्यार
जगतात ओर्राद फुक्यार
पावटी घालीत जार
दिसवड्याचे कश्टी - ॥१०॥

सगळ्यांक पडलां कदेलांचें
वशिल्यांच्या मोलांचें
फुलू खुस्तार खोजन्यांचें
फावलां सदां - ॥११॥

जन मनांतल्या गणा
मोखून मार भिजूडपणां
पुरचे तांकां फोंडां
म्हणटा पूर्णा - ॥१२। .

इति श्री वारा भानगडी घट्टण पुराण
हो अध्याय सोंपता पावतो ऽऽ सा. ।

आमी थंयचे गा

आमी थंयचे गा
आमी थंयचे गा

आडमेळ्यांचे फातर हुपून
आळस पिसाय पैस मोखून
खऱ्या बऱ्या मारता खांदे
आमी थंयचे गा.

झुजा भुंयेर मोख जिखूंक
एकमेकां बळ फुकूंक
स्वाभिमान सत्व राखूंक
प्राणय मारता कोंक्यार
आमी थंयचे गा.
आमी थंयचे गा.

फोंट मारून तळपां फोडूं
आख्खो दर्या घोंटून काडूं
दोंगर फाकून बलांडूंक
हावेसांचे गा हुंकार
आमी थंयचे गा.
आमी थंयचे गा.

आमी कालचेय गा
आमी आयचेय गा
आमी फायचेय गा
जैत जंय अचर्यांनी
दिमी मोडटा दारार
आमी थंयचे गा
आमी थंयचे गा.

भार कोणाखातीर?

कोणा एखाद्याचेर भार
तो कोणाखातीर ?...
एकल्याखातीर
काय सगळ्यांखातीर ?...

सगळ्यांखातीर जाल्यार
तांचेरय मात तरी भार जाय
कर्तव्यांचो, लागणुकांचो,
स्वाभिमानाचो.
भार जाय कश्टांचो, दिश्टाव्यांचो
तत्वांचो, आत्म सन्मानांचो
मात तरी भार जाय.

ना जाल्यार एकलोच कोणतरी
खुब खुब खुबतलो,
आनी भारावेलो विस्वास घेवन
सगळ्यांतल्यान हुबतलो.

मंत्री येता

तांवड्या दिव्या गाडी येता
कुशीन रावात !
टोळ पिट्टोळांची वरात येता
कडेक सरात, मंत्री येता !
आगे गुरवारनी, थंयच राव !
त्रास जाता ? ... जावं !
मंत्री येता !
आरे चणेकारा, सोर्तीकारा
आड्डता कित्याक ? चूप ! !
गिरायक ?
चुकल्यार जाता, मंत्री येता !

आरे , हे कुड्ड्या, थोट्या !
मदींच खंय रिगता ?
पडटलो ?
पडल्यार जाता, मंत्री येता !
हेऽ ! हो तो हिरो !
खंय रिगता ?
" सायबा, गाडी चुकता"
इंटरव्ह्यू ? ...
चुकल्यार जाता.
थंयच राव, मंत्री येता !

आरे ऽ ऽ हो ऽ तो ! x x x चो कोण
तो?
रस्तो हुपून गेलो
धरात ताका . . . .
कितें ? वखदां बाटल्यो फुट्टल्यो ?
फुटल्यार जाता.

फार्टी सर , मंत्री येता !

आरे, तकली कित्या खाता ?
खबर ना ? .. मंत्री येता !
एकलो कोणतरी ...
"मंत्री कित्या येता ?"
"गरिबी हटाव संमेलनाक."
"तशें जाल्यार राव
त्या नागड्या - शेमड्या पोरांक
मुखार हाडटां."

"नाका डेकोरेशन केलां
शो पेड्ड्यार जाता.
मंत्री येता !
"म्हाका तांच्या तळमळ्याक
वाचा फोडूंक जाय."
फो ऽ ऽ ड !
ना ताचे पयलीं
मंत्र्यांच्यो गाडयो फोडूंक जाय !

"कितें !?"
काळ्या हारशांतल्यान
ताका खरे गरीव दिसचे नात.
"हे ऽ होतो ऽ ऽ ! फातर कित्या उखलता ?
" खबर ना ? .. मंत्री येता ! ! "

परीक्षा

जिविताचे प्रस्नपत्रिकेंत
कितलेशेच प्रस्न सोडोवचे आसतात
केन्ना जोडयो जुळोवच्यो आसतात
केन्ना रित्यो सुवातो भरच्यो आसतात.
सुखदुख्खांची वजावाकी, केन्ना बेरीज
केन्ना इत्सा - आकांक्षांचे भागाकार
केन्ना गरजांचे गुणाकार
घोळयत बसचे आसतात
जिविताक टक्क्यांवळ दिवचे घालमेलींत
घामाघूम जावचें आसता.
केन्ना रागा - भोगांचें
व्याकरण सोडोवचें आसता
मनस्तापांचे ग्राफ
सोडोवचे आसतात.
'लायन ,पोयंट ,अँगल ,सर्कल'
भुमिती आनी आंकड्यांचे गर्देत
स्वताकच शेणोवन वसपाचें आसता.
मागीर खंय तरी आंग चोरीत त्रिशंकुच्या
त्रिकोणांत
चुकांच्या चौकोणांत
रार्टीच्या षटकोणांत
आपटत धोंपटत
घुंवत रावचें आसता .
आयुश्याची बेल जाली तरी
कांय प्रस्न उरिल्लेच आसतात
केन्ना बेल जावंचे आदींच
अर्दकुटो पेपर दिवन
भायर सरचें आसता.

कुरवांर्थ

आतां पूर्ण विरामूच बरो
पूण . . . केन्ना केन्ना
स्वल्पविराम तान भागयता
आस जागयता
केन्ना आख्ख्याचो आख्खो
अवतरणाच्या दांवकुलांनी
केन्ना कंसाच्या कवचांनी
एकोड्याक धीर हायफनांचो
उतरा पावलाक रितेपणाचें खांवटें
पूण हीं खांवटींच सांकव जातात,
अर्थ दितात.
मुकार . . . प्रस्न, प्रस्न , प्रस्न
तरी अर्दीमदीं
विराम शिटकायता कुरवांनी
अवचिन्न जिणेक चीन्न, चीन्न, चिन्नां
तरूय वरपाटे चलत आसात.
टींव, टींव, टींव . . .
. . . होच एक उद्गार !

तरसार्दींचे साद

मेल्ल्या कोळशांनी
इंगळ्यांक आफडून,
उज्या केणांचो
घोंस पेटयला.
आनी शिरंत्रांच्या कामठ्यांत
इंगळ्यांन इंगळो रसरसायला.
भात्यार भार भारेला
आनी स्वासांच्या शिळक्यांनी
किटांचो पंख माखयला.
उज्या जिवो सोडीत
प्रखर सुर्या
किर्णांचें वीर्य कडयत उल्ला.
आनी खोर्नांतले शेंदूर रेवेंत,
शिरंत्रांत मंत्र जावन
मोनो जोंधळो
ल्हाय ल्हाय फुटला.
घण घण घणार घण.
छक्क्यांनो जाणा जायात !
उज्या केणांत फुल्लीं फुलां
सुर्या गांवचें उदक पचयत येतात.
आतां उज्या पांय कमकमैत येतात.
धार धार अस्त्रां जावन येतात.
तरसार्दींचे साद घालीत,
दोळ्यांच्या मंडोळ्यांचें
गिराण झडयत येतात !
तुमी शिशूपाल थल्ले देखून.

नवें जग

फिजूल फालतू ते सल्ल्यांचे झेले;
जांकां ना दळ, ना कृतींचे गंध ओले.

भिजुडांच्या भश्टया ओंठार स्फूर्तदिणी वाणी;
फटाशांक त्या न्हय गा, पडचें वळी कोणी.

शिटुकांच्या धंगणां फुटचीं आनी केणां;
चार्टिगांक नागडे करूंक , रावचें न्हय कोणा.

मुखार एक फाटल्यान एक, जिवो त्यो कोंचून काडात;
भरचे आदींच हुजीर तांचे, आमट तीख श्राध्द वाडात.

आत्मवळा घाणा दवरून, जावचें न्हय गा वांज;
मध्यान दिसा नकळटना, जावची न्हय गा सांज.

हें सगळें कित्याखातीर, जोत पेटोवंक न्हिवले वातीर;
येवपी पिळगे नदरांनी, नवें जग देखचे खातीर.

चंवळयो

फाटीर मारून थाप ताणें
आपलेपणा माप दिलें,
हुमरो हुपून वता खिणा
खंजिरान घाय केले.

❑

सकाळ जुवान किर्णां
पोरसांत येवन थांवलीं
आनी वाऱ्यान तांकां
किरमी किरमी किरमिलीं.

❑

दोंगरांच्या थानांतल्यान
फुटले दुदसागराचे घडे,
धर्तरेच्या पाना पानार
फातरच जाले दुदा पेडे !

❑

हांतुणार पडटा तेन्ना
पळ काडटात
मर्णा दिसा, वेळ काडून
घोस्तान रडटात.

❑

सरत्यो मेघां सरी
शेनतना झिगी शिंवरी
भांगरावरी सुर्या पिरी
कुपां कडांनी सोनाय सरी

❑

केन्ना उदाऱ्यांनी, केन्ना पोट तेकोवन
तीं दोंगरा तेमकां कशींय न्हिदतात
केन्ना काना पोंदा हात मुंगरून
एकेच कुशीन सूस्त घोरेतात.

❑

राम - कृष्णांची ख्याती
ग्रंथांनीच निमणें उस्वास घेता
सती सावित्रीची मार्ती
शिंदळक्यांचे शेंदरेर परवंता

❑

आपली जात धाकली
हें सांगूंक, व्हड दाखले व्हेले
आतां ते मात्शे वयर सल्ल्यात
पूण ते जातिची लज दिसूंक लागल्या.

❑

एक कूड सरणार
जळत गेली
कुशीची झाडुल्ली
जित्ती हुलपली

❑

मरणा सरणाच्यो गजाली
निमण्योच दवरुंया
आतांच कित्याक आंगार
मर्णाचो चेर मारुंया ?

फिक्शन

आगा श्री कृष्णा !
"यदा यदा ही धर्मस्य - - - -,"
अशें, मार रथार रावून तुवें म्हणिल्लें
तें याद आसा मूं तुका ?
काय तीं तड्डकांच आशिल्लीं ?

तुजे कल्पनेंतलो धर्म काडून
कांय जाणांनी माळ्यार उडयला
आनी एकमेकां चेंचीत बसल्यात.
कितलेशे अर्जुन ऐन झुजामळार
खांके वरशे करूंक लागल्यात
रथाचीं रोदां मातयेंत मुंगरनास्तना,
कर्ण पळपाचीं निमतां सोदूंक लागल्यात.

हांगा चाटे पावलाक लाखांनी शकुनी.
पांडवांचें मनाधैर्य शेणलां,
कौरवी प्रवृत्तिंनी कुरूक्षेत्र कांडलां.
आनी सत्वपरिक्षेंत फेल जाल्लो भीश्म
कायलोळ्यो करतनाय घाणला
गांधारी धृतराश्ट्रांक कुड्डेपणा वेसन जालां.
द्रोणाचार्यांचे पेपर फुटूंक लागल्यात.
ॲडमिशनाकच आंगठे मागूंक लागल्यात.
विदुरांची राजनिती खतीक गेल्या
मागचे. आदींच कर्णांनी काडून दिल्यांत
आपलीं कवच कुंडलां.
द्रौपदींच्या वस्त्रहरणांचो तर हिशोबूच ना.
अशीं कितलींशींच आसात प्रकरणां.

आगा श्रीकृष्णा !
तूं खरोच आशिल्लो मूं ?
तूं कथीत काय तथाकथीत ?
तूं म्हळ्यार नेमकी कितें भानगड ?

श्रीकृष्णा ! - - -,
आमी तुका मुजत दितात
कापास्ताद आसल्यार
आतां, दाखय तुजें
विराट काय कसलें तें रूप !
सर मुखार !
ना जाल्यार आमी म्हणटले
"म्हाभारत" म्हळ्यार
व्यासान आपले खाजीक वरयिल्लें
एक "फिक्शन"
जाका, साहित्याखातीरचो
पुरस्कार मेळ्ळो ना
इतलेंच !

प्रसववेणो

हांव कितें उलयलां
तें तुमकां झोंबलां आसतलें
तुमी अशे गैरसमज करूं नाकात
तुमच्योच बऱ्यो वायट भानगडी
वृत्यो प्रवृत्यो
म्हाका उलोवंक प्रवृत्त करतात
तीच म्हजी स्फूर्त जाल्या.
म्हज्या प्रसव वेणांचे
तुमीच तर वापूय आसात !



पूर्णानंद ग. च्यारी

कोंकणी - हिन्दी विशयांतल्यान पयले श्रेणींत बी. ए. गोंयांत कोंकणी विशयांत पयले.
कोंकणीतल्यान एम्. ए.
काणकोणच्या मल्लिकार्जुन कला आनी वाणिज्य महाविद्यालयांत कोंकणी व्याख्याते.
ऋतू, उर्बा, सुनापरान्त, जाग ह्या अंकांतल्यान कविता लेखन.
अखिल गोंय पावंडच्यावेल्या लिलाबाई सातपुते यादस्तीक, बाकीबाब बोरकार काव्य सर्त, शारदा मंदीर अशा साबार सर्तीनी कवितेचीं इनामां.
सातत्यान एकांकी लेखन - पारू, कोयरांतले फूल, युग नवें फुलोवया, दीन दीन बालदिन ह्यो बाल एकांकी. तेचप्रमाण कट्टी किटाळ, एका घरांत, एकलव्य, रुदन प्रस्न, देशावतार, प्रस्नांकी - सगळ्यांक लेखनाचे पुरस्कार.
सातत्यान कोंकणी नाटकां खातीर पार्श्वसंगीत आनी पार्श्वगायन.
जय भारता, गोंय म्हजें गायता ह्या दोन कॅसेटींत गीतकार, संगीत रचनाकार आनी गायक म्हूण सहभाग. दिश्टावो - टेलीप्ले गोवा दूरदर्शनावेल्यान प्रसारीत.
दिल्ली, मुंबय, गोंय दूरदर्शनावेल्यान प्रसारीत जाल्ल्या 'जैत' टेलीफिल्माक पार्श्वसंगीत. मुंबई दूरदर्शनावेल्यान प्रसारीत जाल्ल्या 'वधचक्र' मराठी टेलिफिल्माखातीर पार्श्वगायन. आकाशवाणी, दूरदर्शनाखातीर लेखन, गायन.
राज्य तेच प्रमाण राष्ट्रीय पावंडच्यार संगिताखातीर इनामां.
गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाच्या कोंकणी सरस्पत मंडळाचे संस्थापक अध्यक्ष. गोवा युवा महोत्सवाची संकल्पना मुखार हाडप्यांमदले एक. ह्या महोत्सवाचे पयले कार्याध्यक्ष - युवा चळवळींत सक्रीय वांटो.
युवा साहित्य संमेलनाच्या आयोजनांत सुरवातीसावन सक्रीय.
सूत्रसंचालन हो आवडीचो विशय.
मंगळूराक जाल्ल्या पयल्या विश्व कोंकणी संमेलनात गायनाची कार्यावळ.
'मांड सोभाण' संस्थेन घडयल्ल्या भारतांतल्या १२ कलाकारांचे 'पूनव' कार्यावळींत गायन. संस्थेवरवीं सत्कार.

गोवा कोंकणी अकादेमी,

पर्वरी, गोंय